Panaji Regional 23rd June 2025 7.25am

GST – 100

जीएसटी मंत्रीगटाची बसका 26 जूनाक दिल्लीत मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या फुडारपणा खाला जातली. हे बसके खातीर मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हे बिरेस्तारा 26 जूनाक दिल्लीक वचपाचे आसात. जीएसटी महसुला खातीर जो मंत्रीगट (जीओएम) स्थापन जाला ताचे मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत निमंत्रक आसात. ह्या गटांत बिहार, महाराष्ट्र, आंध्र प्रदेश, छत्तीसगड, गुजरात, पंजाब, तमीळनाडू आनी तेलंगण ह्या राज्याचे मंत्री वांगडी आसा. ह्या सगळ्या राज्यांचे मंत्री वांगडी म्हूण बसकेक हाजीर आसतले. हो मंत्रीगट जे निर्णय घेतात वा सुचोवण्यो करतात त्या आदाराचेर जीएसटी मंडळ विचार करून निर्णय घेतात. हॉटेलात समान जीएसटी लागू करचो, बांदकाम वेवसायिकांक आयसीटीचो लाव मेळचो, अशो मागण्यो गोंयच्या उद्येजकानी केल्या.

Archives – 90

राज्यातल्या इतिहासीक हातबरपाचे म्हळ्यार manuscripताचे सर्व्हेक्षण 1 जुलय सावन सुरू जातलें. इतिहासीक हातबरपाचे जतनाये खातीर सरकारान अर्थसंकल्पांत तजवीज केल्या. हाचे खातीर पयल्या पांवड्यार सर्वेक्षण जातलें, अशी म्हायती पुराभिलेख आनी पुरातत्व खात्याचे बालाजी शणै हांणी दिली.

हातबरपाचे डिजिटायजेशन करपाची येवजण आसा. ज्या संस्थां कडेन वा मनशां कडेन हातबरपा आसात, तांचे कडेन संपर्क सादून म्हायती घेतले. देवळांच्यो समित्यो, संस्थांचे पदाधिकारी हांच्यो भेटी घेवन तांचे कडल्यान म्हायती मेळयतले. म्हाविद्यालयांतल्या प्राध्यापकां कडेन वचून लेगीत म्हायती मेळयतले अशें शणै हांणी सांगलें. हातबरपाचे लेगीत डिजिटायजेशन करपाची घोशणा मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी अर्थसंकल्पांत केल्या.

मंत्री शिरोडकार - 130

गोंयांत पर्यावरणाच्या रक्षणाच्या नदरेंतल्यान म्हत्वाची पावलां उखलप गरजेचें आसा.सरकाराच्या वेगवेगळ्या येवजण्यांचो लाव घेवन गोंयांत हरीत क्रांती घडोवपाक तरणाट्यानी मुखार येंवचे अशें आवाहन जलस्रोत मंत्री सुभाष शिरोडकार हाणी केलां.पेडण्या तुयें वाठारांत जलस्रोत खात्यावतीन रोपां वांटपाची कार्यावळ जाली.ते वेळार मंत्री शिरोडकार उलयताले.कार्यावळीक मांद्रेचे आमदार जीत आरोलकार,तुयेंचे सरपंच किरण साळगांवकार, जलस्रोत खात्याचे मुखेल अभियंते डी.वाय.सालेलकार तशेंच विभागीय कृषी अधिकारी रणजीत म्हापसेकार हाजीर आशिल्ले. सुमार दोन लाख चौकण मीटर पडीक आशिल्ल्या जमनींत शेती करची आनी चडांत चड तरणाट्यानी कृषी वाठारां कडेन वळचें म्हण सरकार नव्यो नव्यो शेती संबंदी येवजण्यो तयार करतात अशें मंत्री शिरोडकार हाणी मुखार उलयतना सांगलें. तरणाट्या शेतकारांनी कृषी वाठारांत येवन सरकारी येवजण्यांचो लाव घेवचो अशें आमदार जीत आरोलकार हाणी सांगलां. शेतकारांक आपल्या कडल्यान सगळे तरेची मजत मेळटली अशेंय ताणी आपल्या उलोवपांतल्यान उतर दिलें.कृषी अधिकारी रणजीत म्हापसेकार हाणी हेवेळार कृषी येवजण्यांची म्हायती दिली.

कोंकणीं अकादमी - 130

गोवा कोंकणीं अकादमी आनी दिवचलच्या कोंकणी सेवा केंद्राच्या जोड पालवान कोंकणीचे म्हापुरूस शणै गोंयबाब हांचे १४८व्ये जयंती निमतान १३ वो शणै गोंयबाब जयंती उत्सव आज दिसभर दिवचले जातलो. ह्या उत्सवाची कार्यावळ आज सकाळी साडे णवांक हिराबाई झांट्ये यादस्तीक सभाघरांत जातली.ही कार्यावळ लायन्स क्लब ओफ बिचोलीम हांच्या जोड पालवान जातली.

कार्यावळी च्या उक्तावण सुवाळ्याक मुखेल सोयरे म्हण मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हाजीर रावतले.मानाचे सोयरे म्हण डो.चंद्रकांत शेट्ये आनी दिल्लिच्या साहित्य अकादमी चे निमंत्रक कवी मेलवीन रोड्रिगीश हाजीर रावतले . ह्या कार्यावळीक दिवचलचे नगराध्यक्ष विजय कुमार नाटेकार,गोंय कोंकणी अकादेमीचे

अध्यक्ष डो.पुर्णाऩद च्यारी,प्रशांत चणेकार,पराग नगर्सेकार,तशेंच रुपेश ठाणेकार आदी खाशेले सोयरे म्हण हाजीर रावतले.सकाळच्या सत्रांत कार्यावळीचे उक्तावण जालें उपरांत पयल्या सत्रांत मुकेश थळी,सुदत्त मांद्रेकार,विनायक गोवेंकार ह्या मानेस्तांचो भोवमान जातलो.उपरांत परीसंवाद,प्रश्नमंजुशा सर्त, आनी कविता वाचन सर्त जातली.दनपारच्या सत्रांत कोंकणी रेकोर्ड ग्रुप डांस सर्त,जातली.सांजेच्या ३.३० वरांचेर समारोपाचो सुवाळो जातलो.

Weather – 60

सध्या गोंयांत मोंसून दुबळो पडला. गोंयांत पावसाचें प्रमाण उणें जाल्ल्यान चडांत चड आनी उण्यांत उणे तापमानांत वाड जाल्या. हवामान खात्यान गोंयांत २२ ते २७ जून मेरेन मध्यम स्वरूपाच्या पावसाची शक्यताय उक्तायल्या. गोय वेधशाळेन उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण आज राज्यांत चडा चड तापमान ३२ डिग्रीस celcius आनि उण्यांत उणे तापमान २६ डिग्रीस celcius इतले आसतले.

अँडरसन-तेंडुलकर ट्रॉफी - 55

लीड्सात सुरु आशिल्ल्या अँडरसन-तेंडुलकर ट्रॉफीच्या पयल्या कस लावपी क्रिकेट खेळात भारताचो पयलो डाव ४७१ धावंड्यात सोपल्या उपरांत काल इंग्लंडाचो पयलो डाव ४६५ धावंड्यात सोपलो. कालचो तीसरे दिसाचो खेळ सोपलो तेन्ना भारतान आपल्या दुस-या डावात २ बाद ९० धावंड्यो केल्ल्यो. केएल राहुल ४७ आनी कर्णधार शुभमन गिल ६ धावंड्याचेर खेळता. भारतान ९६ धावंड्यांची आघाडी घेतल्या.